Panaji national 15.04.2026 at 8.40 am

मुखेल खबरो

- राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू आज सावन दोन दिसांच्या महाराष्ट्र दौऱ्यार वतली
- प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदीनी अमेरिकेचे राष्ट्राध्यक्ष डोनाल्ड ट्रम्प कडे दूरध्वनी वेलान संपर्क साधलो
- बिहारचे उपमुख्यमंत्री आणि भाजपाचे फुडारी सम्राट चौधरी आज सकाळी राज्याचे नवीन मुखेलमंत्री म्हणून सोपूत घेतले
- भाजपाचे ज्येष्ठ फुडारी आणि केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाह आज असतंत बंगालात खुपशो जाहीर सभा घेतले'

Prez 60

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू आज सावन दोन दिसांच्या महाराष्ट्र दौऱ्यार वतली. राष्ट्रपती आज सकाळी एम्स नागपूरच्या दुसऱ्या दीक्षांत सुवाळ्याक उपस्थित रावतली आणि उपरांत सांजे नागपूरात राष्ट्रीय प्रत्यक्ष कर अकादमी (NADT) त भारतीय महसूल सेवा (आयकर) अधिकारी प्रशिक्षणार्थींच्या अठ्यातराव्या पंगडाच्या समारोप समारंभाक आसतली. १६ एप्रिलाक आपल्या दौऱ्याच्या दुसऱ्या दिसा, राष्ट्रपती मुर्मू वर्धा हंगा महात्मा गांधी आंतरराष्ट्रीय हिंदी विद्यापीठाच्या सव्या दीक्षांत समारंभाक उपस्थित रावतली

Prez 130

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मूनी राष्ट्रीय सुरक्षेच्या झपाट्यान बदलपी स्वरूपाक फुड़ो करपाक, तंत्रज्ञान-कुशळ आणि कुशल ममनिसबळाच्या गरजेर भर दिला. गांधीनगरात राष्ट्रीय रक्षा विद्यापीठाच्या पाचव्या दीक्षांत समारंभात उलयताना , राष्ट्रपतींनी भर दिला की, कृत्रिम बुद्धिमत्तेच्या उदयान आणि सायबर डेटा सुरक्षेच्या विस्तारान राष्ट्रीय सुरक्षेच्या संकल्पनेत व्हड बदल जाल्यात. राष्ट्राच्या प्रगती आणि विकासा खातीर अंतर्गत सुरक्षा अत्यावश्यक आसा अशे ती उलथली. या कार्यक्रमा वेळार राष्ट्रपतींनी राष्ट्रसेवेतल्या उल्लेखनीय

कामगिरीबद्दल राष्ट्रीय सुरक्षा सल्लागार अजित डोवाल हांका मानद डॉक्टरेट प्रदान केली. त्यांनी 'विकसित भारत'चे ध्येय साध्य करपाक सुरक्षा क्षेत्रात आत्मनिर्भरतेचे महत्त्व अधोरेखित केले. राष्ट्रपती मुर्मू यांनी नक्षलवादा आडच्या लढ्यात crpf आणि हेर सुरक्षा दलांनी दाखयल्या शौर्याची आणि निर्णायक यशाची तोखणाय केली. या समारंभात, राष्ट्रपतींनी नऊ विद्यार्थ्यांक भांगरा पदकां प्रदान केली, तर एकूण पांचशेबसष्ट पदवी/धरांक पदवी प्रदान केली.  गुजरातचे राज्यपाल आचार्य देवव्रत, मुख्यमंत्री भूपेंद्र पटेल आणि गृह राज्यमंत्री बंदी संजय कुमार उपस्थित आशिल्ले

Pm 70

प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदीनी अमेरिकेचे राष्ट्राध्यक्ष डोनाल्ड ट्रम्प ह्यांचे  कडे दूरध्वनी वेलान संपर्क साधलो. सोशल मीडिया वेल्या एका पोस्टात मोदींनी सांगले की, दोनुय पुडाऱ्यांनी असतंत  आशियातल्या परिस्थितीचेर चर्चा केली आणि होर्मुझची सामुद्रधुनी उक्ती आनी सुरक्षित दवरपाच्या महत्त्वार भर दिला. घ्या उलोवपात दोन्य देशांमधल्या वेगवेगळ्या क्षेत्रांतल्या द्विपक्षीय सहकार्यात जाल्या प्रगतीचो नियाळ घेतलो. दोनय वटांनी सगळ्या क्षेत्रांतली आपली व्यापक जागतिक साम/रिक भागीदारी अधिक घटमुट करपाक कटिबद्ध आसात अशे मोदीनी मुखार सांगले

Pm 150

प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदी आज कर्नाटकच्या एका दिसाच्या दौऱ्यार आसा. या दौऱ्या वेळार मोदी मंड्या जिल्ह्यातल्या श्री क्षेत्र आदि/चुनचन/गिरी हांगा श्री गुरु भैर/वैक्य मंदिराचे उक्तावण करतले आनी उलोवप करतले. ते आदले प्रधानमंत्री एच. डी. देवे/गौडा वांगडा

'सौंदर्य लहरी' आणि 'शिव महिम्ना स्तोत्रम्' या पुस्तकांचे संयुक्तपणान प्रकाशन करतले. श्री गुरु भैर/वैक्य मंदिर हे श्री आदि/चुनचन/गिरी महासंस्थान मठाचे ekyattra वे पीठाधि/पती आणि पूजनीय संत श्री श्री श्री डॉ. बाल/गंगाधरनाथ महास्वामी हांका समर्पित एक स्मारक आसा. पारंपारिक द्रविड स्थापत्य/शैलीत बांधलेले हे मंदिर, दिवंगत संतांची जीण आणि दायजाक आदरांजली म्हणून उभे आसा. हे मंदिर फक्त एक पूजनीय स्थान म्हण न्हय, तर भावी पिळयग्यां खातीर एक प्रेरणास्रोत म्हणूनय संकल्पित आसा.

Bihar

बिहारचे उपमुख्यमंत्री आणि भाजपाचे फुडारी  सम्राट चौधरी आज सकाळी राज्याचे नवीन मुखेलमंत्री  म्हणून  सोपूत घेतले . हो  शपथविधी सुवाळो  पाटण्यातल्या  'लोक भवन' हांगा सकाळी ११ क  सुरु जातलो .

वेस्ट बंगाल  70

Astant  बंगालात विधानसभा वेचणुकीच्या पयल्या टप्प्यातल्या मतदानाक फक्त  एक सप्तक उरिल्यान , भाजपान पश्चिम बंगालात आपलो वचेणूक प्रचार नेटान सुरू केला. पक्षाचे ज्येष्ठ फुडारी आणि केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाह आज राज्यात खुपशो जाहीर सभा घेतले. ते दार्जिलिंगातल्या लेबोंग मैदानार दनपारा सभेक उपस्थित रावतले. उपरांत जलपाई/गुडी जिल्ह्यातल्या राजगंज हांगा एका सभेक वतले. अमित शाह अलीपूरद्वारातल्या फल/काटा मिल रोड मैदानार एका सभेत सहभागी जातले मागीर ते कूच/बिहारातल्या तुफान/गंज हांगा कालीबारी आर/एम/सी मैदानार एका जाहीर सभेत वाटेकार जातले

नारी शक्ती

जेन्ना बायलो धोरण तयार करपाक आनी निर्णय घेवपाक सक्रीय वांटेकार जातात तेन्ना दोन हजार सत्तेचाळीस  मेरेन विकसीत भारता कडेन वचपाचो प्रवास घट जाता अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सांगलां.भारताच्या नारी शक्ती विशी  बरयल्ल्या पत्रांत मोदी हांणी सांगलें की फुडल्या दोन दिसांनी म्हणल्यार 16 एप्रीलाक संसद परतून एकठांय येवन नारी शक्ति वंदन अधिनियमा संबंदीत म्हत्वाच्या घटनात्मक दुरुस्तीचेर चर्चा करतले. हो कायदो सभाघरांत संमत जातलो अशी आस्त तांणी उक्तायली. Byte

रिजिजू  120

विशेष संसदीय  अधिवेशना वेळार सरकारान हाडिल्ले बायला आरक्षण विधेयक संतुलित असून ते प्रत्येक समुदाय, प्रदेश आणि प्रत्येक राज्याच्या आकांक्षा पूराय करपी आसा अशे नवी दिल्लीत पत्रकारांकडे उलयताना संसदीय कामकाज मंत्री किरेन रिजिजू हाणी म्हणले.या कायद्यार टीका करपाक कसलोच वाव ना,  अशे सांगुन त्यांनी प्रत्येक राजकीय पक्षाकडे संपर्क साधला आनी या महिन्याच्या १६ ते १८ तारखे मजगती जावपी  संसदीय अधिवेशनात हाडपी या कायद्याक खयचोच  पक्ष विरोध करना अशे सांगले.  जेन्ना 'नारी शक्ती वंदन अधिनियम' मंजूर जाल्लो तेन्ना खंयच्याच राजकीय पक्षान ताका विरोध केलोना. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदीनीय राष्ट्रीय हिता खातीर एकठांय आयिल्याबद्दल सगळ्या राजकीय पक्षांचे आभार मानल्यात अशे रिजीजु हाणी सांगले. बायला आरक्षण हो राजकीय मुद्दा असू शकना आणि बायला आरक्षणाच्या प्रक्रियेक आनीक कळाव जाल्यार  ते अत्यंत वेदना/दायक थारतले अशे ताणी म्हळे.

जितेंद्र सिंह

कृत्रिम बुद्धिमत्ता एक मौल्यवान सक्षम/कर्ता आणि सुविधा/दाता म्हणून काम करू शकता अशे नवी दिल्लीत 'पोस्टग्रॅज्युएट टेक्स्टबुक ऑफ पेडियाट्रिक gastro antology , हेपेtology अँड न्यूट्रिशन'च्या दुसऱ्या आवृत्तीचे प्रकाशन करताना विज्ञान आणि तंत्रज्ञान मंत्री डॉ. जितेंद्र सिंह हाणी म्हळे. संशोधन आणि प्रकाशनाचो वेग लक्षणीयरीत्या वाढला जाका लागुन वैजकीय शिक्षणान संकल्पनात्मक स्पष्टता आणि मुख्य नैदानिक प्रशिक्षणार लक्ष केंद्रित करप आवश्यक जाला अशे ताणी सांगले . नवीन तंत्रज्ञानाक लागुन माहिती मेळोवप सोपे जाला तरी, शिकपाची प्रक्रिया मूळावे आकलन आणि प्रत्यक्ष नैदानिक अनुभवार आधारित आसपाक जाय हाचेर ताणी भर दिलो. तंत्रज्ञानाचे एकत्रीकरण आणि रोगांची वाढती गुंतागुंत यांसारख्या उदेत्या आव्हानां प्रमाण वैजकीय शिक्षण प्रणाली सतत अद्ययावत करपाची गरज आसा अशेय मंत्र्यांनी अधोरेखित केले.

यात्रा

वार्षिक श्री अमरनाथजी यात्रे खातीर आगाऊ नोंदणी आज सावन देशभरातल्या पांचशे चोपपन निर्धारित बँक शाखांनी ऑनलाइन आणि ऑफलाइन पद्धतीन सुरू जातली . श्री अमरनाथ तीर्थक्षेत्र मंडळ SASB न यात्रेकरूं खातीर सविस्तर पावंड्याची प्रक्रिया जारी केल्या. सत्तावन दिसांची ही यात्रा ३ जुलैक सुरू जानली आणि रक्षाबंधनाच्या दिसा, २८ ऑगसटाक सोपतली.

sports 60

आयपीएल क्रिकेटात चेन्नई सुपर किंग्सान काल राती चेन्नईतल्या एमए चिदंबरम स्टेडियमार कोलकाता नाइट रायडर्सांचो बत्तीस धावज्यांनी पराभव केलो. आजच्या खेळात, बंगळूरुतल्या एम. चिन्नास्वामी स्टेडियमार सांजे साडेसातांक रॉयल चॅलेंजर्स बंगळूरु आनी लखनौ सुपर जायंट्स ह्या पांगडामदि खेळ जातलो

Imd 70

भारतीय हवामान खात्यान आज अरुणाचल प्रदेशात घोंगयाणी पावस पडपांचो अदमास उक्तायला . ईशान्य भारत, जम्मू आणि काश्मीर, लडाख, कर्नाटक आणि असतत बंगालच्या काय सुवतींनी फुडले दोन ते तीन दिसांत गडगड आणि विजांचो कडकडाट जावपाची शक्यता आसा. आयएमडीच्या म्हणण्या प्रमाण आंध्र प्रदेश दर्यादेग, कर्नाटक दर्यादेग , गुजरात, केरळ, गोंय, ओडिशा, तमिळनाडू, पुडुचेरी आनी कराईकल हांगा ह्या म्हयन्याच्या 18 तारखे मेरेन उश्ण आनी दमट हवामान उरपाची शक्यताय आसा.

आता खबरो सोपोवचे पयली परत एक फावट काय मुखेल खबरो

- राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू आज सावन दोन दिसांच्या महाराष्ट्र दौऱ्यार वतली
- प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदीनी अमेरिकेचे राष्ट्राध्यक्ष डोनाल्ड ट्रम्प कडे दूरध्वनी वेलान संपर्क साधलो
- बिहारचे उपमुख्यमंत्री आणि भाजपाचे फुडारी सम्राट चौधरी आज सकाळी राज्याचे नवीन मुखेलमंत्री म्हणून सोपूत घेतले
- भाजपाचे ज्येष्ठ फुडारी आणि केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाह आज असतंत बंगालात खुपशो जाहीर सभा घेतले’

---------------